# <u>शेती खात्याचो जानेवारी म्हयन्याचो प्रगती नियाळ</u>

ता. 8 फेब्रूवारी 2018

19 माघ 1939

राज्यात वायंगणी भात पिक लागवड पूर्ण जाल्ली आसा. राज्यात सगळया वाठारात काजू झाडांक बरो मोहोर आयिल्लो आसा आनी बरे पिक मेळपाची अपेक्षा आसा. तर आंब्याच्या झाडांक नुकतोच मोहोर येवपाक लागला.

प्रधानमंत्री फसल बिमा येवजणेखाला म्हैसूर हांगा 12 ते 14 जानेवारी मेरेन जाल्ल्या कार्यशाळेत खात्याचे उपसंचालक श्री. चिंतामणी बी. पेरणी हांणी वाटो घेतलो.

शेतकी खात्यान बाळ्ळी-केपे हांगा आदर्श कृषी सहकारी खरेदी विक्री प्रक्रिया संस्थेन आयोजित केल्ल्या शेती प्रदर्शनात वाटो घेवन शेतक-यांक आधुनिक शेती तंत्रज्ञान आनी कल्याणकारी येवजणांची म्हायती दिली.

शिव योग आश्रम, गुडगांव-हरयाना हांगा जाल्ल्या सेंद्रीय शेती प्रशिक्षण कार्यशाळेत शेतकी मंत्र्यावांगडा दोग शेतकी अधिकारी आनी शेतक-यांनी प्रतिनिधीत्व केले.

आधारभूत किंमत म्हुण भात लागवडीखातीर 397 शेतक-यांक, ऊस लागवडीखातीर 425 शेतक-यांक, पामतेल लागवडीखातीर 5 शेतक-यांक, नाल्लाखातीर 21 शेतक-यांक मेळून रू. 132.69 लाखाचे अनुदान दिले.

शंभर शेतक-यांक रू. 27.93 लाखांची शेती लागवडीची यंत्रणा दिली. विहिर खणपाक 10 शेतक-यांक मेळून 10.79 लाखांचे अनुदान दिले. पंप, स्प्रिंकलर आनी हेर साधना बसोवपाक 17 शेतक-यांक मेळून 4.61 लाखांचे अनुदान दिले. तशेच शेत लागवडीची नुकसानभरपाय म्हुण 63 शेतक-यांक 4.54 लाखांची मदत दिली.